**<u>विधानसभा वेंचणूकेच्या फाटभूंयेर सोरो विक्री आनी येरादारीचेर निर्बंध</u>**

ता. 7 फेब्रुवारी 2022

गोंय विधानसभा वेंचणूक 2022 खातीरचे मतदान आनी मतमेजणीच्या फाटभूंयेर गोंय राज्यांतली सगळीं परवानाधारक सोरो विक्रीची बारां आनी दुकानां ता. 12 फेब्रुवारी 2022 दिसा सांजेची 5.00 वरांसावन ते ता. 15 फेब्रुवारी 2022 दिसा शुन्य वरांमेरेन आनी ता. 10 मार्च 2022 दिसा बंद दवरपाचे निर्देश सरकारान दिल्यात. बार्र आनी रेस्टोरंट परवानो आशिल्ल्या आस्थापनांक फकत खावपाचे जिन्नस विकपाक मेळटले आनी तशीं सुचोवणी दिवपी बोर्ड लावचे पडटले. बार्र काऊंटर बांद दवरचो पडटलो आनी वयल्या दिसांनी सोरो विकपाक मेळचो ना.

तशेंच वयल्या काळांत गोंय राज्यांतल्या वाठारांत सोऱ्याची येरादारी करपाक वा लागी बाळगुपाकय निर्बंध लागू केल्ले आसून खंयचीय व्यक्ती आपल्या कुटुंबातल्या वांगड्या सयत बियर सोडून भारतीय बनावटीच्या विदेशी सोऱ्याची वा विदेशी सोऱ्याची पाऊण बाटली आनी 650 एमएलच्यो स बियरीच्यो बाटल्यो आनी देशी सोऱ्याची पाऊण बाटली एका जाग्यावयल्यान दुसऱ्या जाग्यार व्हरपाक शकतली वा आपल्या लागी बाळगुपाक शकतली.

ही अधिसुचोवणी ता. 12 फेब्रुवारी 2022 दिसा सांजेची 5.00 वरांसावन ते ता. 15 फेब्रुवारी 2022 दिसा शुन्य वरांमेरेन आनी ता. 10 मार्च 2022 दिसा पुराय गोंय राज्यांत लागू आसतली.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2022/101

--

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji